वि . वि . म
रामकृष्ण महादेव साळगांवकर उच्च माध्यमीक विद्यालय
कोंब मडगांव गोंय
दुसरी सत्र परिक्षा मार्च २०२५

यत्ता: अकरावी
विशय: कोंकणी
वेळ: ३ वरां
तारीख: ०५|०३|२०२५
गूण: ८०

सुचवण्यो:

1.दरेका प्रस्नाची जाप नव्या पानार सुरु करची .

2. प्रस्नाचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.

3. सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात .

4. उजवे वटेन बरयिल्ले आंकडे प्रस्नांचे वट्ट गूण धरचे.

5. प्रस्न क्रमांक 6,7,8,9,10,11,15आनी 27 हया प्रस्नांक अंतर्गत पर्याय आसात.

---

## विभाग अ (गद्य आनी पद्य)

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो एका वाक्यांत बरयात .

1. ट्रक ड्रायव्हर फुडल्या ट्रकाक कित्याक सायड मारनाशिल्लो ? 1
2. आयच्या तरणाटयांनी कसलें काम करपाक जाय अशें सर्गेस्त प्रभाकर वैद्य म्हणटात? 1

सकयल दिल्ल्या रित्या सुवातिनी कंवसात दिल्ले योग्य पर्याय वापरून कवितेच्यो वळी पुराय करात.

3. हाडां म्हजी.........करा 2
क्रिस्तावरी........ मारा

( खुरसार ,चुरो , पिटो , वण्टीर )

4. देखून ,मनशांतले ........., 2
........ म्हणल्यार मीठ

( सैमीक कण, मनीसपण , ल्हानपण, निसर्गीकण )

5. सकयल दिल्ल्यो जोडयो जुळोवन परतून बरयात :

| क | ख | |
|---|---|---|
| (i) हील स्टेशन | • 1848 पुण्याक | 1 |
| (ii) पयली चलयांची शाळा | • गर्वान भरिल्ली | 1 |
| (iii) पोपाय | • महाबळेश्वर | 1 |
| | • 1748 नाशिक | |

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो 5 ते 6 वाक्यांनी बरयातः

6. कवी इब्राहीम अफगाण जिवितांतलो आनंद कशे तरेन घेवपाक सोदता? 3

वा

कवी गाव सोडून गेल्ल्या भावाक शेतांत परत येवन किते करपाक सांगता?

7. कोंकणीचो मोग आपल्याक गोंया वटेन ओडटा अशे मेल्विनबाब कित्याक म्हणटा ? 3

वा

कवयित्रीन कवितेंत मिठाची व्हडवीक कशे तरेन सांगल्या ?

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो 6 ते 7 वाक्यांनी बरयातः

8. टिचर रमेश देसाय कॉलेजीचो हिरो कसो जालो? 4

वा

लेखिकेक खऱ्या अर्थान बायलांचे सशक्तीकरण केन्ना जातले अशे दिसता ?

9. माडयेक किते पळोवन खूब वायट दिसले? 4

वा

कुंकळ्ळे कुयेलो नांवाचो एक पुलीस अधिकारी कुंकळ्ळेच्या लोकांक कशे तरेन त्रास करतालो?

सकयल दिल्ल्या पद्यांशाचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात 4

10. कूड कापता मंगळूर शारा
स्वास सोदता गोंयच्या गांवां
वांचून उरुंक कोंकणी मांयचें
अमृत म्हाका पियेवंक सोडा

वा

खोरें सातांत धरुन भावा
मेरो कोनशे खणून पळय
तासां मदीं पावलां मारीत
जुवांक दातें बांदून पळय

सकयल दिल्ल्या विधानांचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात. 5

11. " आय ॲम सॉरी ,हांव शेनवाराक येवंक पावचो ना ,सॅटरडे इव्हनींग आय हॅव टू अटेंड अ मॅरिज."

वा

'आमकां पळोवन तो आपले दांत नाशिल्ले तोंड उगडून हांसलो.'

## विभाग ब (व्याकरण)

सकयल दिल्ली वाक्या कंवसांत सुचयल्ले प्रमाण बदलून बरयात.

12. एकलो तरी पुर्तुगेजांच्या हाताक लागलो तर ? . (न्हयकारी करात) 1

13. हांव शेनवारा येवंक पावचो ना. ( प्रस्नार्थी करात ) 1

14. तिणे विधवा (बायल) भुरगें दत्तक घेतलें .
(कसांत दिल्ल्या उतराक फावो तो विभक्ती प्रत्यय लायात ) 1

15. सेलेब्रेशनाची ताची सगळी उमेदच मातयेभरवण जाली .
(वर्तमानकाळांत करात ) 1

वा

मागीरच पट्टात त्यो गजाली करशात ? (आज्ञार्थी करात)

सकयल दिल्ल्या वाक्यांत आडी मारिल्ल्या उतरांच्या जाग्यार कंवसांत दिल्ल्या योग्य त्या वाक्प्रचारांचो वापर करून विधाना परतून बरयात.

16. आयच्या काळांत दर एके बायल मनशेन स्वतंत्र आसपाक जाय . 1

17. नेहा आपल्या हांतरूणार सोरोप पळोवन व्हडाव्हडान बोवाळ मारपाक लागले . 1

( तकलेक घेवप , आपल्या पांयार उबे आसप , जिवाक गोळ लागप , आड्डूक लागप)

सकयल दिल्ल्या उतरांची उरफाटया अर्थाची उतरां बरयात.

18. उबें 1

19. प्रत्यक्ष 1

सकयल दिल्ल्या उतरांची विशेशणां करात.

20. माया 1

21. खडप 1

सकयल दिल्ल्या उतरांची भावनामां करात.

22. मानसीक 1

23. उंच 1

24. वेगळो 1

सकयल दिल्या ओपारीचो अर्थ बरयात.

25. दोन घरांचो सोयरो उपाशी 1

26. आवय बापायक दिवं नाका दुख्ख ,सदाकाळ तुका मेळटले सूख 1

27. मानल्यार देव, नाजाल्यार फातर 1

वा

पातकी जावं येता पूण घातकी जावचें न्हय

सकयल कंवसांत दिल्या क्रियापदांचे फावो तें रुप रित्या सुवातीनी घालून ओळी पुराय करुन बरयात. 4

28. केसरीतल्यान सत्याग्रहा विशीं जायत्यो बातम्यो______ . त्यो वाचूक मेळटाल्यो . पूण तेन्ना ठामपणान सत्याग्रह म्हळयार किते तें म्हाका सारकें खबर ________. ल्हव ल्हव बुद्द वाडत गेली तसो सत्याग्रहाचो अर्थ कळपाक ______आनी सुटके झुजाऱ्या विशी मनांत आदर निर्माण ______.

( जावप , येवप , सोपप, नासप, लागप )

29. 'दर्यावेळांचेर वाडटे अपघात ' हया विशयाचेर आवय/चलो हांची मदीं जाल्लो संवाद सुमार 10 ते 12 वाक्यांनी बरयात. 5

30. सर्वोदया उच्च माध्यमीक विद्यालयांत आयोजित केल्ल्या 'पुस्तक प्रदर्शन' कार्यावळीची आमंत्रण पत्रिका / आपोवणे तयार करात. 5

सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचे सकयल विचारिल्ल्या प्रस्नाच्यो जापो तुमच्या उतरांनी बरयात.

बदलत्या काळांत धर्मीक उत्सवांचें स्वरूप बदलपाचे यत्न चल्ल्यात. चालंत काळांत अशे यत्न समाजीक नदरेन भोव गरजेचे आसात. जण एका धर्माचे लोक एकामेकाचे उत्सव मनयतात. हांतूतल्यान धर्मीक एकचार सादूंक पावता. उत्सव म्हळयार निखटो खोशयेचो, मौजमजा करपाचो, खावपाजेवपाचो दीस न्हय. समाजाक शिकोवपाक , एकजीव करपाक उत्सवांची व्हड गरज आसा. एकमेकांचे उत्सव पळोवप , तांचे फाटलो हेतू ,इतिहास तशेंच तांचे म्हत्व ,स्वरूप ,बी समजून घेवप आनी ते मनापसून मनोवप ही काळाची गरज आसा. हांतूतल्यान एक सूज्ञ समाज घडूंक पावतलो. हेरा विशींचे गैर समज , वायट विचार , कुच्छित्रीपणां ना जावंक पावतली.

प्रस्नः

31. बदलत्या काळांत कितें बदलपाचे यत्न चल्ल्यात ? 1

32. धर्मीक एकचार कशे तरेन सादु येता ? 1

33. उत्सवांची व्हड गरज कित्याक आसा ? 1

34. एक सूज्ञ समाज कशे तरेन घडूंक पावतलो? 1

35. उताऱ्याक फावो सारको माथाळो दियात . 1

36. प्रिया/ प्रितेश रायकर, घर नं.२०१ , कोंब मडगांव, गोय साकून सकयल दिल्ल्या पदाखातीर अर्ज करता अशे समजून तुमी अर्ज करात. 5

| गरज आसा |
|---|
| बँक मॅनेजर<br>शिक्षणीक पात्रतायः बि.कॉम<br>टंकलेखन (टायपीग) येवप गरजेचें<br>संगणकाचें विशयाचे गिन्यान<br>कोंकणी भाशेचें गिन्यान गरजेचें<br>अणभव : उण्यांत उणें एक वर्स<br>पुराय म्हायती सयत अर्ज करात<br>संपर्कः मुख्य अधिकारी<br>संजीवनी बँक<br>काणकोण गोंय. |

37. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका विशयाचेर सुमार 250 उतरांनी निबंद बरयात. 8

- बरी भलायकी : सुखी जिवीत
- खबरांपत्राच नाशिल्ली जाल्यार
- हांवे पळयिल्ली सर्कस
- हांव थरतरी उलयता

*****************